राष्ट्रीय खबरो 08.05.2025 8.40 am

ऑपरेशन सिंदूराचे फाटभुंयेर सरकारान आयज नवी दिल्लींत सर्वपक्षीय बसका आपयल्या.

जम्मू आणि काश्मीरतल्या नियंत्रण रेषेचेर काल राती पाकिस्तानी सैन्यान केल्या फारपेटाक भारतीय सैन्यान प्रभावीपणान प्रत्युत्तर दिले.

आपल्या समपदस्ता कडेन परराश्ट्र मंत्री डॉ. एस जयशंकर हाणी ऑपरेशन सिंदूर अंतर्गत सीमापार दहशतवादाक भारतान दिल्या कडक प्रतिसादाबद्दल चर्चा केली.

आज आयपीएल टी-20 क्रिकेट सरतींत पंजाब किंग्स दिल्ली कॅपिटल्स पांगडा आड खेळटले.

सिंदूर 50

ऑपरेशन सिंदूराचे फाटभुंयेर सरकारान आयज नवी दिल्लींत सर्वपक्षीय बसका आपयल्या. हे बसकेंत सरकार वेगवेगळ्या राजकी पक्षांच्या फुडाऱ्यांक हे कारवायेची म्हायती दितलें. पक्ष फुडाऱ्यांनी ऑपरेशन सिंदूराची तोखणाय केल्या आनी सशस्त्र दळान आतंकवादाच्या विरोधांत घेतिल्ल्या कारवाईबद्दल अभिमान उक्तायला. पहलगाम आतंकवादी हल्ल्या उपरांत सरकारान खंयचीय कारवाय केल्यार विरोधकांनी हाचे पयलीं तेंको दिल्लो.

लेह 80

ऑपरेशन सिंदूर उपरांत लेह विमानतळ बंद जाल्ल्यान लद्दाखांत आडखून पडल्ल्या पर्यटकांक तांच्या अनियोजीत रावपाच्या काळांत फुकट रावपाची वेवस्था आसा. हॉटेलां वा गेस्ट हावसांतल्यान चेक आउट केल्या लेहांत आडखून उरील्ले पर्यटक,

हॉस्पिटॅलिटी उद्देगा कडल्यान ही मजत घेवंक शकतात. लेह क्षेत्रांत वचपाची सगली नियोजीत विमान येरादारी रद्द जाल्ल्यान हजारांनी पर्यटक लद्दाखांत आडखून पडल्यात.

ऑल लद्दाख हॉटेल आनी गेस्ट हाऊस असोसिएशनाच्या बॅनरा खाला लद्दाखच्या हॉस्पिटॅलिटी उद्देगांतल्या सगळ्या भागधारकांनी उद्देगा कडल्यान हया मजतीचे पद्दती वरवीं हे परिस्थितींतल्या पर्यटकांक आपलो तेंको आनी हुस्को उक्तावपाचो हो निर्णय जाहीर केला.

US 100

अमेरिकेच्या एका संसदान पाकिस्तानाक भारता कडे आशिल्लो सध्याचो तणाव लोकशाय आनीक दुबळो करपा खातीर वापरचो न्हय अशें आवाहन केला, जाल्यार दुसऱ्या एका संसदान भारताच्या प्रतिकारात्मक हल्ल्यांक आपलो पुराय तेंको आनी समर्थन दिला. फाटल्या म्हयन्यांत पहलगामांत जाल्ल्या भयानक आतंकवादी हल्ल्या उपरांत आतंकवादा आड लडपांक आनी फुडाराक हिंसाचार आडावपाची गरज आनीकय खर जाल्या अशें भारतीय वंशाचे राजा कृष्णमूर्ती हांणी म्हणले. मजगतीं, आतंकवाद सोंसूंक जायना आनी जाप दिनासनासतना रावूक  जायना अशें आनीक एक भारतीय वंशाचे संसद  ठाणेदार  हांणी सांगलें. भारताक आपल्या लोकांची राखण करपाचो अधिकार आसा आनी हयो आतंकवादी जाळयो मोडून उडोवपाच्या यत्नांत भारताक आपल्या इश्ट देशा वांगडा घटमूटपणान उबो रावला अशें ठानेदार हाणी  सांगलें.

सोथेबी120

सोथेबीज हाँगकाँगातलो  पवित्र पिप्रहवा बौद्ध अवशेषांचो काल जावपाचो आशिल्लो लिलाव फुडें धुकलपाक संस्कृताय मंत्रालयाक येस मेळ्ळां. विल्यम क्लॅक्सटन पेप्पे हाणी  अठराशे आठ्यानव वर्सा पिप्राहावाचे अवशेषांचे उत्खनन केले. तातूंत बुध्दाच्या हाडांचे कुडके, शाबू फातर आनी स्फटिक हांचीं कास्केट, वालुकाश्माचो कुडको, भांगराचे दागिने आनी रत्नां अशा  इतिहासीक भेटवस्तूचो आस्पाव जाता. एका कास्केटाचेर ब्राह्मी लिपींत बरयल्ल्या शिलालेखाक लागून हो शाक्य कुळान सांठयल्लो बुध्दाचो अवशेश आसा हाची खात्री जाता. ह्या अवशेशांतले चडशे अवशेश अठराशे नव्यानव वर्सा कोलकाता हांगाच्या भारतीय संग्रहालयांत हस्तांतरीत केले आनी भारतीय कायद्याप्रमाण तांकां 'ए.ए. पुरातन वस्तू म्हणून वर्गीकृत केले. देखून ते काडप वा खरेदी करपाक मनाय असली. हाडांचो अवशेशाचो एक भाग सियामच्या राजाक भेट म्हणून दिलो, जाल्यार डब्ल्यू.सी. पेप्पेचो पणतू ख्रिस पेप्पे हाणें राखून दवरिल्ल्या निमाणे संस्कारांतल्या रत्नांचो एक भाग लिलावा खातीर नोंद केलो.

रेड्डी 100

पुराय देशान भारतीय सैन्याक आदार दिवपाचो खर संदेश दिवक जाय  अशें तेलंगनाचे मुख्यमंत्री ए रेवंत रेड्डी हांणी म्हणला . हैदराबादांत जाल्ले उंचेल्या पांवड्यावेले बसकेंत परिस्थितीचो नियाळ घेतना तांणी सांगलें की  ह्या कठीण काळांत पक्षांनी संयम दवरचो.

बेकायदेशीर रितीन रावपी पाकिस्तानी आनी बांगलादेशी नागरिकांक ताब्यांत घेवपाक पुलिसांक सांगलां. नागरी पुरवण, हीथ आनी हेर आपत्कालीन सेवांतल्या अधिकाऱ्यांक आपत्कालीन गरजे खातीर तयार रावपाचे निर्देश दिल्यात. सगल्या खात्यांक पुराय समन्वयान काम करपाक सांगलां आनी लोकांक कसलेच त्रास सोंसचे न्हय हाची खात्री करूक सांगल्या . लश्करी आनी नौदलाच्या सगळ्या कार्यालयांनी खाशेले सुरक्षा उपाय करतले आनी सगळ्या संरक्षण आस्थापनांनी,

परदेशी वाणिज्य दूतावासांत आनी  आनी हैदराबादांतल्या आंतरराष्ट्रीय विमानतळारय सुरक्षा वाडयतले.

LOC 45

जम्मू आणि काश्मीरतल्या नियंत्रण रेषेचेर काल राती पाकिस्तानी सैन्यान केल्या फारपेटाक  भारतीय सैन्यान प्रभावीपणान  प्रत्युत्तर दिले. संरक्षण सूत्रांनी सांगले की, जम्मू आणि काश्मीरच्या केंद्रशासित प्रदेशातलया  कुपवाडा, बारामुल्ला, उरी आणि अखनूर भागात नियंत्रण रेषेर पाकिस्तानी सैन्यान विनाकारण लहान शस्त्रांनी गोळीबार केलो  आणि भारतीय सैन्यान बेगोबेग  आणि फाव ते  प्रत्युत्तर दिले.

FM 110

स्पेन, जर्मनी, फ्रांस, कतार आनी जपानांतल्या आपल्या समपदस्ता  कडेन परराश्ट्र मंत्री डॉ. एस जयशंकर हाणी चर्चा करतना ऑपरेशन सिंदूर अंतर्गत सीमापार दहशतवादाक  भारतान दिल्या कडक प्रतिसादाबद्दल चर्चा केली. पहलगाम दहशतवादी हल्ल्याच्या फाटभुयेर या देशांच्या एकता आणि तेकयाचे ताणी  कौतुक केले. आणि  दहशतवादाक  शून्य सहनशीलता सुनिश्चित करण्याबद्दलय  चर्चा केली. मजगतीं, परराश्ट्र मंत्रालयान फ्रांस, चीन, रशिया आनी हेर देशां सयत संयुक्त राश्ट्रांच्या सुरक्षा मंडळाच्या स्थायी आणि अस्थायी सदस्यांच्या राजदूतांकय म्हायती दिली. दुसरे वटेन पाकिस्तान आनी पाकिस्तान व्याप्त जम्मू-काश्मीरांतल्या णव सुवातींनी आतंकवाद्यांचेर आनी आतंकवादी मुळाव्या साधनसुविधांचेर लक्ष्य करून हल्लो जाले उपरांत रोखडेच राष्ट्रीय सुरक्षा सल्लागार अजीत डोवाल हांणी जायत्या देशांतल्या समपदस्ता कडे चर्चा केली. डोवाल हांणी आपल्या समपदस्ताक केल्लीं कृती आनी अंमलबजावणी पद्दती विशीं म्हायती दिली

टिकिट 960

पहलगाम आतंकवादी हल्ल्या उपरांत आनी ऑपरेशन सिंदूर सुरू जाले उपरांत एअर इंडिया आनी एअर इंडिया एक्सप्रेस विमान कंपन्यांनी  भारतीय सशस्त्र दळांक तेको दिवपाक बुकिंग केल्ल्या संरक्षण कर्मचाऱ्यां खातीर तिकीट रद्द केल्यार फुकट रिशेड्यूलिंग वा पुराय रिफंड दिवपाची ऑफर दिल्या. टाटाच्या मालकीच्या एअरलाइनान  म्हणला की, या महिन्याच्या ३१ तारखे मेरेन एअर इंडिया आणि एअर इंडिया एक्सप्रेसच्या फ्लाइटत  विशेष भाडे आशीले  आणि बुक केलेले संरक्षण कर्मचारी टीकेट  रद्द झाल्यार  पूराय  परतफेड करपाक  पात्र असतले याव्यतिरिक्त, ३० जून २०२५ पर्यंत प्रवास बदलांखातीर  एक वेळच्या रिशेड्युलिंग सवलत मेळटली.सशस्त्र दळांच्या निस्वार्थी सेवेक आनी कर्तव्याक आदार दिवपा खातीर हो निर्णय घेतला अशें विमान कंपनीन सांगलें.

RBI 90

नियमन प्रक्रिया प्रमाणीत करपाच्या हेतान भारतीय रिझर्व्ह बँकेन नियमन तयार करपाची चौकट उजवाडायल्या. अधिकृत निवेदना प्रमाण ह्या नेमांत रिझर्व्ह बँकेन जारी केल्लीं सगले  निर्देश,, मार्गदर्शक तत्वां, अधिसुचोवण्यो, आदेश, धोरणां, तपशील आनी मानकांचो आस्पाव जातलो. नव्या चौकटी प्रमाण आरबीआयन अशा नियमनाचो मसुदो बँकेच्या अधिकृत संकेतथळार तपशील विधानासयत उजवाडावचो आनी भौशीक टिप्पणी आपोवची. तपशीलांच्या विधानात नियमनाची उद्दिश्ट आसपावपाक जाय, जातूंत शक्य तितले ह्या नियमनाचें परिणाम विश्लेशण आसपावपाक जाय. तशेंच आंतरराष्ट्रीय मानक थारावपी संस्थां कडल्यान मार्गदर्शन आनी उत्तम पद्दतींचोय आस्पाव जातलो, तो लेगित आसपाक जाय. उपरांत बँकेन भागधारकांक आपलीं टिप्पणीं सादर करपाक उण्यांत उणे 21 दीस दिवचे अशे सांगला

Imd 90

भारतिय  हवामान खात्यान फुडल्या 4-5 दिस देशांतल्या उदेंत, अस्तंत, मध्य आनी ईशान्य वाठारांनी हलको  ते मध्यम पावस पडपाचो अदमास काडला. आयएमडीन

सांगलें की , महाराष्ट्र, गुजरात, मध्य प्रदेश, विदर्भा, छत्तीसगढ़ हांगा 11 मे मेरेन हलको ते मध्यम पावस पडपाची शक्यताय आसा. तशेंच गुजरातांत घोंगयानी पावस, आनी आयज उत्तराखंडात गारपिटाची शक्यताय आसा. फुडल्या 5 दिसांत उपहिमालयन अस्तंत बंगाल, सिक्किम, गंगेटिक अस्तंत बंगाल, ओडिशा, बिहार आनी झारखंडांतल्या कांय वाठारांनी उश्णतायेच्या ल्हारांची शक्यताय आसा अशें आयएमडीन सांगलें. आयज ओडिशा, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, केरळ आनी माहे हांगा उश्ण आनी दमट हवामानाची शक्यताय आसा. मजगतीं, राष्ट्रीय राजधानीच्या कांय वाठारांनी काल सांजवेळार हळुवार पावस पडलो.

आयपीएल 40

आयपीएल टी-20 क्रिकेट सरतींत काल रातीं ईडन गार्डन्सांत जाल्ल्या मॅचिंत चेन्नय सुपर किंग्स पंगडान कोलकाता नाइट रायडर्स पंगडाक दोन विकेटींनी हारयलो. आयज धर्मशाळांतल्या हिमाचल प्रदेश क्रिकेट असोसिएशन स्टेडियमाचेर पंजाब किंग्स दिल्ली कॅपिटल्स पांगडा आड खेळटले. ही मॅच सांजेच्या साडेसात वरांचेर सुरू जातली.

ऑपरेशन सिंदूराचे फाटभुंयेर सरकारान आयज नवी दिल्लींत सर्वपक्षीय बसका आपयल्या.

जम्मू आणि काश्मीरतल्या नियंत्रण रेषेचेर काल राती पाकिस्तानी सैन्यान केल्या फारपेटाक भारतीय सैन्यान प्रभावीपणान प्रत्युत्तर दिले.

आपल्या समपदस्ता कडेन परराश्ट्र मंत्री डॉ. एस जयशंकर हाणी ऑपरेशन सिंदूर अंतर्गत सीमापार दहशतवादाक भारतान दिल्या कडक प्रतिसादाबद्दल चर्चा केली.

आज आयपीएल टी-20 क्रिकेट सरतींत पंजाब किंग्स दिल्ली कॅपिटल्स पांगडा आड खेळटले.